# 5 जून दिसा राज्यांत टिका उत्सव

ता. 1 जून २०२२

सरकारान आयतार 5 जून 2022 दिसा राज्यभरांतल्या वेगवेगळयां केंद्रांचेर 'टिका उत्सव' आयोजीत केला. सगळयां लाभार्थींक सावधगिरीचो डोस दिवपाखातीर टिका उत्सव आयोजीत केला.

हेल्थ केअर वर्कर, फ्रंटलाइन वर्कर्स, 60 वर्सां पिरायेवयले नागरिक आनी जांणी दोन डोस घेवन 9 म्हयने पूर्ण जाल्यात ते सावधगिरीचो डोस घेवपाक पात्र आसात.

टिका उत्सवाच्या दिसा पंचायत, शाळा, कम्युनिटी हॉल आनी लाभार्थ्यांक लागी आशिल्ल्या केंद्रांचेर लसीकरण सत्र आयोजीत करतले.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत विभाग, पंचायत, पुलीस, शाळा, थळाव्यों आपवावूरपी संस्था, रोटरी, लायन्स क्लब आनी हेर संस्थांनी टिका उत्सव यशस्वी करपाखातीर सहकार्य करचे, अशें सरकारान मागला.

सगळयां पात्र लाभार्थ्यांनी ह्या संधीचो लाव घेवन स्वता लसीकरण करून घेवचे, असो उलो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मारला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/389

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji